**फुडल्या पिळगे खातीर पर्यावरण सांबाळप -** श्री. गुदिन्हो

पणजीः डिसेंबर 19, 2023

गोंय हें देशांतलें एक दोलायमान आनी सुविकसीत राज्य जावचें म्हूण सरकारान शिक्षण, भलायकी, कुशळटाय उदरगत, विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान ह्या मुखेल क्षेत्रांक प्राधान्य दिलां अशें येरादारी आनी पंचायतीराज मंत्री श्री.मावीन गुदिन्हो हांणी जोगर्स पार्क चिखलीं वास्को  आयोजीत केल्ल्या 63वे गोंय मुक्ती दीस कार्यावळींत उलयतना सांगलें. मंत्र्यान तिरंगो उबयलो आनी विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी आनी पुलीस पथकांनी सादर केल्ल्या गार्ड ऑफ ऑनर आनी मार्च-पास्टाची पळोवणी केली.

श्री. गुदिन्हो हाणें फुडें लोकांक आवाहन केले की, उदरगत आनी प्रगतीक आडमेळीं येतात म्हूण दुसऱ्यांक भडकावपाचें न्हय. संवसारीक दर्जाची साधनसुविधा, बरी येरादारी वेवस्था आनी नितळ वातावरण राखपाचें आसल्यार लोकांच्या बऱ्या जिणेक आदार आनी सहकार्याची गरज आसा अशें तांणें सांगलें.

गोंय पर्यटन राज्य आशिल्ल्यान आमचो सैम सांबाळपा खातीर सरकारान राज्यांत इलेक्ट्रीक बशी सुरू केल्यात. येरादारीची गर्दी उणी करपाक दाबोळीं आनी वेर्णा सर्कलांत दरेकी एक उड्डाण पूल बांदपाची सरकाराची येवजण आसा, ताची बुन्याद बेगीन घालतले. मुरगांवचें म्हत्व सांगतना मंत्र्यान मुरगांवाक एका काळार गोंयची राजधानी म्हूण वळखताले अशें सांगलें. राज्याचें मुखेल बंदर हांगा आसा, विमानतळ, उद्देगीक वाठार आसा पूण ताचो योग्य उपेग करून घेवंक ना जी करपाची गरज आसा हाचेर ताणे भर दिलो.

गोंय शिक्षण आनी विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान केंद्र करपाक तरणाट्यांनी वांटो घेवचो अशें आवाहन मंत्र्यान केलें तशेंच सोशल मिडिया आनी आर्टिफिशियल इंटेलिजन्सचो गैरवापर करपा पसून स्वताक पयस दवरपाचोय सल्लो दिलो. गोंयांतल्या तरणाट्यांचो फुडार उज्ज्वल आसा अशें तांणी सांगलें. उदरगती वांगडा समाज कल्याण येवजण्यो प्रभावीपणान चालीक लायतले आनी साध्य करतले ही आमची वचनबद्धताय आसा अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मार्च-पास्ट परेड जाली जंय विद्यामंदिर हायस्कूल, केशवस्मृती हायस्कूल, येल्लालिंगेश्वर शारदा मंदिर हायस्कूल झरीत हांच्यांनी पयलें, दुसरें आनी तिसरें इनाम मेळयलें. सुवाळ्या उपरांत सांस्कृतीक कार्यावळीं जाले आनी तातूंत चिकलीं आनी ताच्या भोंवतणच्या वाठारांतल्या विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी लोकनाच, देशभक्तीचीं गितां सादर केली.

वास्कोचे आमदार श्री. कृष्णा साळकार, मुरगांवचे आमदार श्री. संकल्प आमोणकार, जिल्लो पंचायतीचे वांगडी श्रीमती अनिता थोरात, चिखलीं ग्रामपंचायतीची सरपंच श्रीमती कमला प्रसाद यादव, चिखली ग्रामपंचायतीची उपसरपंच श्रीमती ऐश्वर्या कोरगांवकार, केटीसीचे अध्यक्ष कृतेश गांवकार, एमएमसीचे नगरसेवक श्री. विनोद किनळेकार, उपजिल्होधिकारी भगवान करमळी, पंचायतीचे उपसंचालक श्री. प्रसिद्ध नायक, मुरगांवचे मामलेदार श्री. प्रवंजय पंडीत, मुरगांवचे बीडीओ श्री. इमॅन्युअल द कोस्ता, वास्कोची एडीइआय श्रीमती वत्सला विश्वंभरम, एपीईओ श्री. मंगेश गांवकार, नामनेचे नागरीक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

**डीआय/एनबी/डीबी/पीएन/एनपी/2023/**

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.